# 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस

ता. 18 ऑक्टोबर 2024

गोंय पुलीस खात्यावतीन ता. 21 ऑक्टोबर 2024 दिसा पुलीस स्मृती दीस पाळपात येतलो. पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर सकाळी 8.00 वरांचेर कार्यक्रम जातलो. ह्या दिसा राष्ट्र आनी नागरीकांची सेवा करतना आपलो जीव वगडायिल्ल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

दर वर्सा 21 ऑक्टोबर दिसा राष्ट्र आपल्या मायभूंयेच्या अखंडतायेची राखण करतना जम्मू-काश्मीरातल्या हॉट स्प्रिंग्स (लडाख) वाठारांत मरण आयिल्ल्या धा शूर पुलीस जवानांच्या बलिदानाचे स्मरण करता. अक्साई चिन शिम वांठारातल्यान भारतीय हद्दीत प्रवेश करून सशस्त्र चिनी सैनीकांनी केल्ल्या हल्ल्यात ह्या पुलीस कर्मचाऱ्यांक मरण आयिल्लें.

1959 च्या मदल्या काळासावन चिनी सैनिकांनी केल्ल्या शिम उल्लंघनाक लागून शिम वाठारांत सुरक्षा दळां सक्रिय जाता आसतनाच अचकीत चिनी सैनिकांकडल्यान भारतीय सुरक्षा दळाचेर हल्लो जाता. 21 ऑक्टोबर दिसा DCIO करम सिंग हांच्या नेतृत्वाखालच्या पुलीस दळाचेर सशस्त्र चीनी सैनिक आधुनिक शस्त्रांनी आनी हातबॉम हल्लो करतात. पुण, फकत रायफलांसयत सशस्त्र भारतीय पुलीस जवानांनी दुस्मानांचेर मात करीमेरेन आपले मैदान सोडले ना. ह्या हल्ल्यात 10 पुलीस जवानांक मरण आयले आनी 9 पुलीस जवानांक चीनी सैनिकांनी धरले.

चिनी सैनिकांकडल्यान भारतीय पुलीस दळाचेर जाल्ल्या ह्या हल्ल्यात हुतात्मे जाल्ल्या पुलीस जवानांप्रती पुराय भारत देशान शोक व्यक्त केलो. मरण आयिल्ल्या पुलीस जवानांच्यो कुडी 13 नोव्हेंबर दिसा चिनान भारतीय सैन्यदळाकडेन सोपयल्यो आनी दुसऱ्या दिसा सकाळी 8.00 वरांचेर हॉट स्प्रिंग्स (लडाख) हांगा त्या कुडींचेर अंत्यसंस्कार जाले. ह्या शूर सैनिकांच्या बलिदानाबद्दल शोक व्यक्त करपाखातीर देशांत प्रत्येक जिल्हा मुख्यालयात पुलीस दळाची परेड जाली.

उपरांत ( 1960) वर्सा देशातल्या सगळ्यां पुलीस संघटनांच्या मुखेल्यांनी समाज आनी देशाची सेवा करतना मरण येवपी पुलीस जवानांच्या उगडासाक दर वर्सा 21 ऑक्टोबर ह्या दिसा पुलीस स्मृती दिस म्हूण पाळपाचो निर्णय घेतलो. 21 ऑक्टोबर 2021 दिसा मानादीक प्रधान मंत्र्यांनी नवी दिल्लीतल्या चाणक्यपुरी हांगा आपले कर्तव्य आनी निसुवार्थ सेवा करतना मरण येवपी पुलीस जवानांच्या उगडासाक उभारिल्लें राष्ट्रीय पुलीस स्मारक समर्पित केले.

गोंय पुलीस लेगीत गोंयच्या लोकांची निस्वार्थपणान सेवा करतात आनी अशी सेवा करतना तांणी आपलो जीव वगडायिल्लो आसा. पुलीस स्मृती दिसा हेड कॉन्स्टेबल सर्गेस्त बलराम बी. शिंदे, पुलीस उपनिरीक्षक सर्गेस्त अभिषेक शेर-अली परवेज गोम्स, पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त शैलेश के. गांवकर आनी पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त विश्वास बी. देयकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/584

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.